NEP

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 संवसारीक दर्जाच्या  संवसारीक पांवड्यावेल्या शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर तयार केल्ली तत्वगिन्यानी चौकट म्हूण काम करता आनी विकसीत भारत 2047 चें सपन साध्य करपाचो सगळ्यांत म्हत्वाचो मार्ग जाला अशें शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलें.आयज नवी दिल्लींत अखिल भारतीय शिक्षा समागम 2025 च्या उक्तावण अधिवेशनांत उलयतना तांणी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 हे  भारतीय शिक्षण वेवस्थेंत परिवर्तनकारी पुनःर्जागरण दर्शयता हाचेर उजवाड घालो. शाळे पयलींच्या शिक्षणाचेर उलयतना तांणी सांगलें,कि देशांत पयलेच खेपे पूर्व शालेय, भुरगेपणाची जतनाय आनी शिक्षण संस्थात्मक चौकटीचें रूप घेवपाक लागलां. ह्या धोरणाक लागून समग्र, समावेशी आनी फुडाराक तयार शिक्षण प्रणालीची घट बुन्याद घालता. कार्यावळी वेळार केंद्रीय मंत्र्यान वेगवेगळ्या प्रकल्पांची  बुन्याद घाली आनी तारा ॲप आनी माय कॅरियर सल्लागार ॲप सुरू केले byte nep

शाह 60

13 ऑगस्ट 2025 सावन मणिपूरांत राष्ट्रपती  राजवट  आनीक स म्हयने वाडोवपाच्या थारावाचेर विचार करपाक वेवसाय सल्लागार समितीक  दोन वरां दिल्यांत.हाची म्हायती आयज राज्यसभेचे उप सभापती  हरिवंश हांणी राज्यसभेंत दिली. संसदेच्या चालू पावसाळी अधिवेशनांत राज्यांत राष्ट्रपती राजवट वाडोवपा खातीर गृहमंत्री अमित शाह एक वैधानिक ठराव मांडटले. मुख्यमंत्री एन. बिरेन सिंह यांच्या राजीनाम्या उपरांत या वर्सा १३ फेब्रुवारीक  मणिपूरात  राष्ट्रपती राजवट लागू केल्ली.

सिंदूर 75

पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याक जाप दितना भारतान केल्ल्या बळिश्ट, यशस्वी आनी निर्णा/यक ऑपरेशन सिंदूराचेर राज्यसभेंत खाशेली चर्चा जाली.

चर्चेचे  उक्तावण करतना संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी जम्मू-काश्मीरांतल्या पेहल्गामात 26 निश्पाप लोकांक क्रूरपणान मारील्ल्या तीन आतंकवाद्यांक मारून उडयल्ल्या खातीर भारतीय सैन्य आनी सुरक्षा दळाक परबीं दिली. आतंकवाद्यांची लिपपाचीं सुवाती नश्ट करून भारत आतंकवादा आड  शून्य सहिश्णुताय स्वीकारता असो स्पश्ट संदेश दिवप हो ऑपरेशन सिंदूराचो हेत आशिल्ल्याचेर तांणी भर दिलो. देशाचो फुडार घडोवपाक ऑपरेशन सिंदूराची भुमिका खूब म्हत्वाची aasa अशें तांणी सांगलें.

ISC  140

कुशळटाय उदरगत आनी उद्देजकता मंत्रालयान आयज  इंडिया स्किल्स कॉम्पिटिशन (ISC) २०२५ खातीर नोंदणी लिंक उगडली भारतांतल्या सगळ्यांत प्रति/भावान तरणाट्यांक वळखुपाक, पोसपण करपाक आनी इनामां दिवपाक, आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार राष्ट्राचें प्रतिनिधित्व करुक  तयार करपाक आनी तांची कुशळटाय आनी तज्ञ/ताय प्रदर्शित करपा  खातीर ही द्विवार्षिक सर्त तयार केल्या. तरणाट्यांक वेवसायीक शिक्षणांत करिअर करपाक प्रेरणा दिवप आनी आयच्या अर्थवेवस्थेंत कुशळ वावराचें म्हत्व वळखुपाचो हे सर्तीचो हेत आसा. सगल्या 36 राज्यांतले आनी केंद्र शाशित प्रदेशातले  भाग घेवपी सर्तींत 63 कुशळटाय सादर करतले. ही सर्त सगळ्या भारतीय नागरिकांक उक्ती आसा. उण्यांत उणी पिराय 16 वर्सां आनी चडांत चड पिरायेची मर्यादा 25 वर्सां. भाग घेवपी 1 जानेवारी 2001 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्ले आसूंक जाय.इत्सूक व्यक्तींनी स्किल इंडिया डिजिटल हब पोर्टलाचेर वा ताचे वरवीं नोंदणी करूंक शकता. निमाणी तारीक 30 सप्टेंबर.राष्ट्रीय सर्तींतल्या जैतिवंतांक वर्ल्डस्किल सर्त 2026 आनी हेर आंतरराष्ट्रीय प्लॅटफॉर्मांचेर भारताचें प्रतिनिधित्व करपा खातीर व्हड प्रमाणांत प्रशिक्षण आनी मार्गदर्शन  मेळटलें.

हवामान  60

भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थान, बिहार, हिमाचल प्रदेश, मध्य प्रदेश आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात काय सुवातिनी पावस पडपाचो अदमास काडला. दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, गुजरात, कर्नाटक, ओडिशा, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, झारखंड, केरळ, माहे आनी ईशान्य राज्यांत मध्यम ते चड पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान अंडमान आनी निकोबार जुंवे, बिहार, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, अस्तंत बंगाल, झारखंड, सिक्किम आनी ओडिशा हांगा गडगड आनी वादळी वाऱ्या वांगडा पावस पडपाचो अदमास काडला.

स्पोर्ट्स 65

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भारतीय ग्रॅण्डमास्टर दिव्या देशमुख आनी कोनेरु हंपी हांकां फिडे बायलांच्या विश्वचषक 2025 वर्सा विजेती आनी उपविजेती जाल्ल्या खातीर परबीं दिल्यात. फायनलींत दिव्या देशमुखान आपली भारतीय सहकारी कोनेरु हंपीक हारोवन हो खिताब जिखलो . सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपती मुर्मून दिव्या पिरायेच्या एकोणीसव्या वर्सा हे जेतेपद जिखपी पयली भारतीय बायल जाल्ल्याची तोखणाय केल्या.